## सेंट फ्रान्सिस झेवियर पवित्र अवशेश प्रदर्शन तयारीचो बसकेत नियाळ

## प्रदर्शन वेबसायटीचे उक्तावण

ता. 18 ऑक्टोबर 2024

पर्यावरण मंत्री आलेक्स सिक्वेरा हांच्या अध्यक्षतेखाला आयज पर्वरे मंत्रालयांत सेंट फ्रान्सिस झेवियर पवित्र अवशेश प्रदर्शना खातीरच्या सचिवालय समितीची बसका जाली. पोरणे गोंय हांगा 21 नोव्हेंबर 2024 ते 5 जानेवारी 2025 मेरेन सेंट फ्रान्सिस झेवियर पवित्र अवशेश प्रदर्शन जातले. बसकेत प्रदर्शना संबंदीत आयोजीत कार्यक्रमांचे नियोजन, वेवस्था आनी देखरेख अशां विशयांचेर चर्चा जाली.

बसकेक कुमारजुवेंचे आमदार श्री. राजेश फळदेसाय, मुखेल सचीव श्री. पुनित कुमार गोयल, प्रदर्शन समितीचे आयुक्त श्री. संदीप जॅकीस, अरूण कुमार मिश्रा, उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी डॉ. स्नेहा गीते, उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी श्री. अश्विन चंद्रु, म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री. दीपक बांदेकर, मजूर आनी रोजगार आयुक्त डॉ. लेविन्सन मार्टिन, प्रदर्शन समितीचे समन्वयक फा. हेनरी फाल्काव आनी हेर सरकारी विभागांचे अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

सेंट फ्रान्सिस झेवियर पवित्र अवशेश प्रदर्शन काळात गोंयांत भेट दिवपी भाविकांक उत्कृश्ट सुविधा दिवपा खातीर आवश्यक साधनसुविधा, जशी येरादरी, निवास आनी हेर वेवस्थेचो नियाळ घेतलो. बसकेत सुशोभिकरण, रस्ते, टॉयलेट, विद्युतीकरण, सीसीटीव्ही कॅमेरा, सुरक्षा वेवस्था, पार्किंग, इलेक्ट्रिक बुगींस आनी हेर सुविधांचेरय चर्चा जाली.

ह्या वेळार भाविकांच्या सोयिखातीर सुरू केल्ल्या वेबसायटीचे उक्तावण केले. भाविक https://sfxexpo2024.goa.gov.in/ ह्या वेबसायटीचेर वचून आवश्यक म्हायती मेळोवक शकतात.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/585

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.